गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 9 वर्स 2019**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.10. 2019 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार , गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांत" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

### 1. नेवांशास्त्रांत सहाय्य प्राध्यापक (Professor in Neurology) .... 2 पदां

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 1 प्रमाणें) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिस रे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिस ऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी

(डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो 1 वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकीय पदवी (डी.एम.) / मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची गरज ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## ii. भलायकी सेवा संचालनालय

**2. वरिश्ठ ईएँनटी चिकित्सक (Senior ENT Surgeon) ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 1 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुस रे वळेरींत वा तिस रे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळळ्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां कामाचो अणभव वा पदव्युत्तर पदविका मेळळ्या उपरांत 5 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

**3. कनिश्ठ क्ष- किर्णतज्ञ (Junior Radiologist ) ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100 + 5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिस ऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी मेळना जाल्यार संबदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी आसूंक जाय. (iii) पदविका धारकाच्या संबंदान, पदव्युत्तर पदविका मेळळया उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय.
(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** मराठीचें गिन्यान.

## <u>iii. गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय</u>

**4. वास्तूशिल्पशास्त्रांत सहयोगी प्राध्यापक (Associate professor in Architecture)..... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गियांक आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 3, 400-67, 000+9000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक -** (i) वास्तूशास्त्रांत पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर वा मास्टर पदवी वा तत्सम, एकतर बॅचलर वा मास्टर पदवी ( ii) पीएच.डी वा तत्सम योग्य विशयांत विद्याशाखा (iii) शिकोवपाचो /उद्देगीक संशोधनांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव.

**टीप:** वास्तूशास्त्रा संबंदान, वास्तूशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 5 वर्साचो वेवसायीक अणभव वैध धरतले. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) पीएच.डीच्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी पूर्व पीएच.डी उपरांत प्रकाशनां केल्लीं आसूंक जाय. (ii) शिकोवपाचो /संशोधनांत/उद्देगीक क्षेत्रांत पूर्व पीच.डी पदवेंत 2 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iii) मराठीचें गिन्यान.

## (iv) उच्च शिक्षण संचालनालय

**5. सरकारी महाविद्यालयांत सहाय्यक वाणिज्य प्राध्यापक** (Assistant professor in Commerce in Government College) **......1 पद**

**वेतन श्रेणी: रू.**15,600-39,100+6,000/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयात मास्टर पदवी पांवड्यांर उण्यांत उणे 55 टक्के गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तिची आसतली पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्या वा मेळ्ळया जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां महाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना ऍनईटी/एसईटी ची किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली" (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान

## (v). सचिवालय

**6. प्रशासन सुदार खात्यांत तांत्रिक अधिकारी (Technical Officer in Administration Reform Department ) .......1पद [(शारिरीक अपंगुळा) खातीर आरक्षीत (अस्थिरोग अपंगूळ)]**

**वेतन श्रेणी: रू.** 9,300-34,800 + 4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें)

**पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक -** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची पदवी वा तत्सम (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** (i) सचिवालय प्रशिक्षण आनी वेवस्थापन संस्थेंत वेवस्थापनांचो मूलभूत सेवा अभ्यासक्रम यशस्वीपणान पूर्ण केल्लो आसूंक जाय वा तत्सम हेर खंयच्याय मान्यताय प्राप्त संस्थेतल्यान प्रशिक्षण घेतिल्लें आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.